**<u>राज्यपालाकडल्यान गुढी पाडवो, विशू आनी बैसाखी सणाची परबीं</u>**

ता. 12 एप्रिल 2021

गोंयचे राज्यपाल श्री. भगतसिंग कोश्यारी हांणी गोंयच्या लोकांक गुढी पाडवो, विशू आनी बैसाखी सणाच्या शुभप्रसंगार काळजासावन ह्रनह्रनीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, आमच्या देशाक अनेक सण-उत्सवांचे समृध्द दायज लाभिल्ले आसा आनी आमी हे सण-उत्सव उमेदीन, धर्मीक आनी भक्तीभावान मनयतात. ह्या उत्सवातल्यान एकवट आनी सलोख्याची भावना मजबूत जातना विविधतायेत एकजूट ह्या तत्वाविशींची आमची वचनबद्दताय आनीक वाडटा. जरी हे तीन उत्सव भारताच्या वेगवेगळ्या प्रदेशांतल्या लोकांकडल्यान मनोवपात येता आसले तरी हे तीनय उत्सव पारंपारिक नवें वर्स आनी लुंवणीच्या मोसमाच्या खुशालकायेच्या भावार्थाचे प्रतीक आसा.

ह्या वर्सा आमी हे उत्सव सुरक्षा शिश्टाचारांक पाळो दिवन मनोवया. ह्या वर्साचो गुढी पाडवो, विशू आनी बैसाखी सण प्रत्येकाच्या जीणेत चड शांतीकाय, समृध्दी आनी खुशालकाय घेवन येव, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/३११

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji